# कारागिर परीक्षांचो निकाल जाहिर

ता. 8 नोव्हेंबर 2018
17 कार्तिक 1940

परीक्षा मंडळान सप्टेंबर 2018 त घेतिल्ल्या अखिल भारत/अखिल गोंय कारागिर बीबीबीटी आनी एडवान्सड मोडयुल्स एनसीव्हीटी/एससीव्हीटी आनी अल्प मुजत अभ्यासक्रम परीक्षांचो निकाल जाहिर केला आनी उत्तीर्ण उमेदवारांच्या आसन क्रमांकाची यादी संबंदीत सरकारी आनी खाजगी आयटीआय केंद्राच्या नोटिस बोर्डाचेर लायिल्ली आसा.

सरकारी आनी खाजगी आयटीआयच्या अनुत्तीर्ण आनी नियमीत प्रशिक्षणार्थ्यांनी मार्च 2019 च्या परीक्षेक बसपाखातीर संबंदीत आयटीआय संस्थेत अर्ज कपाची निमणी तारीख 4 डिसेंबर 2018 आसा आनी अशें अर्ज चलन  पावतीसयत ता. 7 डिसेंबर 2018 मेरेन कुशळताय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालय, पणजी हांगाच्या परीक्षा विभागात पावपाक जाय.

तशेंच विशयाच्या गुणांचे फेरमुल्यांकन करपाखातीर संबंदीत आयटीआय संस्थेत अर्ज करपाचे निमणी तारीख 12 नोव्हेंबर 2018 आसा आनी अशें अर्ज ता. 16 नोव्हेंबर 2018 मेरेन परीक्षा विभागात पावपाक जाय. उपरांत आयिल्ले अर्ज स्वीकारचे नात.

फुडल्या वर्साचे स म्हयन्याचे अल्प मुजत अभ्यासक्रम फेब्रुवारी 2019 त सुरू जातले. हे अभ्यासक्रम सेमिस्टर पध्दतीखाला घेतले.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1641